१८-०५-२०२६

सकाळी: ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**रोहन खंवटे**

गोयांत पर्यटन मुळाव्यो सुविधा अदीक सक्षम करपा नदरेन पर्यटण मंत्री रोहन खंवटे हाणी काल दक्षीण गोंयांतल्या केळशी आनी बाणावले दर्यावेळांक भेट दिली. आनी थंयच्या प्रस्तावीत उदरगतिच्या कामांची पळोवणी केली. दर्यावेळांवयलो पादचारी मार्ग, सुशोभीत करणाखातीर थारायल्ल्यो सुवाती, भोवशीक नितळसाणघरां, तशेंच हेर सुविधांची ताणी पळोवणी केली. हे वेळार पर्यटन संचालक केदार नायक, थळावे गांवकार,शॅक मालक संघटणेचे प्रतिनिधी आनी पर्यटन खात्याचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. बाणावले पर्यठण मंत्र्यानी नूस्तेंमारीचीय,उदका खेळ वेवसाया कडेन संबंधीत वांगडी आनी शॅक मालक हांचे कडेन संवाद सादून पर्यटन वेवसाय, नितळसाण,आनी थळाव्यांच्या उप जिविकेकडेनसंबंदीत आशिल्ल्या प्रस्नांचेर ताणी चर्चा केली.गोंय हें देसांतलें मुखेल पर्यटन केंद्र आसून पर्यटकांक अदीक बर्यो सुविधा दिवपा खातीर सरकार बांदील आसा अशें मंत्री रोहन खंवटे हाणी सांगलें. हे वेळार मुखार उलयताना तांणी म्हळे....

आरजी -

रिव्होल्युशनरी गोवन्स पक्ष बरखास्त जावचे ना. ताचे अस्तित्व कायम उरतलें. पक्षविरोधी कारवायो करतल्यांचेर कारवाय जातली, अशें आरजीचे मुखेली मनोज परब हांणी सांगलां. कार्यकारिणी बसके उपरांत पत्रकार परिशदेत तांणी ही म्हायती दिली. पक्ष विरोधी कारवायां खातीर आमदार विरेश बोरकार हांकां कारणां दाखय नोटीस जारी केले उपरांत आरजीन तांचे कडेन आयज सांजे बसका दवरल्या. पक्षाचे मुखेली मनोज परब आनी हेर पदाधिकारी आमदार विरेश बोरकार हांचे कडेन स्पश्टीकरण तशेंच हेर गजालींचेर चर्चा करतले.

आरजीचे मुखेली मनोज परब आनी आमदार विरेश बोरकार हांच्या समर्थकां मदीं फाटले खूबशे दीस आरोप प्रत्यारोप सुरू आसात. फेसबूक पोस्टा वतीन हें झूज सुरू आसतना शेनवारा आमदार विरेश बोरकार हांच्या समर्थकांनी पत्रकार परिशद घेवन मडगांवां पक्षा विशीं बसका जाल्ल्याची म्हायती दिली. हाचे उपरांत आयतारा मुखेली मनोज परब हांच्या फुडारपणा खाला आरजीच्या कार्यकारी समितीची बसका जाली. हे बसकेक आमदार विरेश बोरकार गैरहाजीर रावले.

तिरूमाला एनओसी -

तिरूमाला तिरूपती सोसायटीक राज्यात आशिल्ल्यो शाखा चलोपा खातीर सशर्त एनओसी दिल्या. ऑडिट अहवाल आनी कागदपत्रां सादर केल्ल्यान आसा त्यो शाखा चलोवपा खातीर तांका एनओसी दिल्या, अशी म्हायती सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दिली. तांका नव्यो शाखा मात सुरू करपाक मेळच्यो ना, अशें सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगलें.

तिरूमाला तिरूपती सोसायटीन राज्यात आनीक शाखा सुरू करपा खातीर एनओसी मागिल्ली. पयली सरकारान ही एनओसी दिल्ली. मात सोसायटीन फाटले काय वर्सांचे ऑडिट अहवाल सादर करूक नाशिल्ल्याचे लक्षात आयले उपरान सरकारान एनओसी रद्द केली. हाका लागून गोंयांतल्या ठेवीदारामदी भिरांत निर्माण जाली. लोकांनी ठेवी काडपा खातीर गर्दी केली. सोसायटीच्या अधिकाऱ्यांनी सहकारमंत्री सुभाष शिरोडकार हांची भेट घेवन चर्चा केली. हाचे उपरान सोसायटीन कागदपत्रां सादर केली. आता ऑडिट अहवाल लेगीत सादर केल्या उपरांत सरकारान एनओसी परत दिल्या. ही एनओसी सुरू आशिल्ल्या शाखां खातीर आसा, नव्या शाखां खातीर ना, अशें सहकार खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी लेगीत स्पश्ट केलां.

**हवामान**

हवामान खात्यान आयज नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान 34.6 अंश सेल्सिअस तापमान जाल्यार उण्यांत उणे 29.2 अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या. मुरगांवांत चडांत चड 34.2 अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे 27.8 अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या. फुडल्या स दिसांत गोंयांतलें चडांत चड तापमान 34 ते 35 अंश सेल्सिअस मेरेन जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 24 ते 25 अंश सेल्सिअस मेरेन उरपाची शक्यताय आसा.

आयपीएल -

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल राती दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान राजस्थान रॉयल्स पंगडाक पाच गड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना राजस्थान रॉयल्स पंगडान आपल्या निर्धारित २० षटकांत ८ बाद १९३ धावंड्यो केल्ल्यो. उपरांत १९४ धावंड्यांचे मोख, दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान १९.२ शटकात पूराय केले. केएल राहुलान सगळ्यात चड ५६ धावंड्यो केल्यो. काल धरमशाळेत जाल्ल्या आनीक एका खेळात, रॉयल चॅलेंजर्स बँगलोर पंगडान पंजाब किंग्स पंगडाक २३ धावंड्यांनी हारयले. आयज चेन्नयच्या एम.ए. चिदंबरम स्टेडियमात सनरायझर्स हैदराबाद आनी चेन्नई सुपर किंग्स पंगडामदी सांजे ७.३०क खेळ जातलो.

ही आसा एक कळोवणी ....

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीरयोग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा.

अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.